National news 16.08.2025 @ 8.40 am

- भगवान श्रीकृष्णाच्या जन्माचे प्रतीक अशिल्ली परब जल्माष्टमीचो उत्सव आयज देशभरात मनयतात.
- भारताच्या स्वातंत्र्यदिसा निमित्त जागतिक फुडर्यांनी दिल्या हार्दिक शुभेच्छां खातीर राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू आणि प्रधान मंत्री नरेंद्र मोदी यांनी आभार मानले.
- देशांतल्या खेळाक चालना दिवपा खातीर केंद्र सरकारान खेलो इंडिया धोरण हाडलां अशें प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी सांगलें.
- ग्रॅण्ड स्लॅम जेरुसलेम एथलेटिक्स सर्तींत ऑलिंपियन अंकिता ध्यानीन बायलांच्या 2000 मीटर स्टीपलचेसांत राष्ट्रीय विक्रम मोडून भांगरा पदक जिखलें
- भारतीय हवामान खात्यान आयज कोंकण आनी गोंयांत खूब व्हड ते खुप घोग्यांनी पावस पडपाचो अदमास काडला

Ashtmi 140

भगवान श्रीकृष्णाच्या जन्माचे प्रतीक अशिल्ली परब जल्माष्टमीचो उत्सव आयज देशभरात मनयतात. श्रीकृष्णाची प्रार्थना करपा खातीर देवळांनी भक्तांची गर्दी जाल्या . उत्तर प्रदेशांतलें मथुरा आनी वृंदावन हे शार श्रीकृष्णाच्या जल्माची परब मनोवपा खातीर पुरायपणान तयार आसात. बाँके बिहारी देवूळ, प्रेम मंदिर, इस्कॉन देवूळ आनी भगवान श्रीकृष्णाची जल्मभूंय मथुरा हांगाच्या श्री कृष्ण जन्मभूमि देवळा सयत हजारांनी देवळां आकर्शक पद्दतीन सजयल्यात. राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू हानी श्रीकृष्ण जन्माष्टमीनिमित्त देश-विदेशात रावपी भारतीयांक हार्दिक शुभेच्छा दिल्यत. जन्माष्टमीच्या संदेशात राष्ट्रपतींनी हो उत्सव आनंद आणि उत्साहान भरला अशे म्हणले. भगवान श्रीकृष्णांचे जीवन आणि शिकवण लोकांक आत्म-विकास आणि आत्म-साक्षात्काराक प्रेरित करता अशे ताणी म्हणला. भगवान श्रीकृष्णांनी धर्माच्या मार्गाचे अनुसरण करून मानवतेक परम सत्याच्या प्राप्तीबद्दल प्रबोधन केले अशे ताणी म्हणले. राष्ट्रपती मुर्मू यांनी अधोरेखित केले की हो उत्सव लोकांक योगेश्वर श्रीकृष्णांनी मूर्त रूप दिल्या शाश्वत मूल्यां

आपणावपाक प्रेरित करता. त्यांनी सगळ्याक भगवान श्रीकृष्णांच्या शिकवणींचे पालन करपाची आणि समाज आणि राष्ट्र अधिक मजबूत करपाची प्रतिज्ञा करपाचे आवाहन केले.

मुर्मू 120

भारताच्या स्वातंत्र्यदिसा निमित्त जागतिक फुडर्यांनी दिल्या हार्दिक शुभेच्छां खातीर राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू आणि प्रधान मंत्री नरेंद्र मोदी यांनी आभार मानले. सोशल मीडिया पोस्टत राष्ट्रपती मुर्मू यांनी इस्रायलचे अध्यक्ष इसाक हर्झोग आणि मालदीवचे अध्यक्ष डॉ. मोहम्मद मुइझ्झू यांचे त्यांच्या शुभेच्छां खातीर आभार मानले. मालदीवच्या जनते कडे आणि सरकाराकडे मैत्रीपूर्ण संबंध वाडोवपाक भारत वचनबद्ध आसल्याचे राष्ट्रपतींनी प्रतिपादन केले. राष्ट्रपतींनी इस्रायल आणि भारताच्या नागरिकां खातीर शांतता, सुरक्षा आणि विकासाचीय शुभेच्छा दिल्या. भारताच्या ७९ व्या स्वातंत्र्यदिनानिमित्त शुभेच्छा दिल्याबद्दल मोदी यांनी फ्रान्सचे अध्यक्ष इमॅन्युएल मॅक्रॉन, भूतानचे प्रधान मंत्री त्शेरिंग तोबगे, मॉरिशसचे प्रधान मंत्री डॉ. नवीन रामगुलाम आणि मालदीवचे अध्यक्ष डॉ. मोहम्मद मुइझ्झू हांचेय आभार मानले. भारत फ्रान्सबांगडा. धोरणात्मक भागीदारी अधिक घटट कर पाक वचनबद्ध आसा आणि येवपी काळात भारत आणि भूतानमधले मैत्रीचे बंध अधिक घटट जावचे अशी इत्सा मोदीनी व्यक्त केली.

रोझ्गार 70

संरक्षण, तंत्रगिन्यान,उर्जा, अंतरिक्ष आनी उत्पादन ह्या मळार भारताची प्रगती सांगून आत्मनिर्भर भारत ही विकसीत भारताची म्हत्वाची बुन्याद अशें प्रधानमंत्री हांणी रेखांकित केलें. भारताच्या

संरक्षण आत्मनिर्भरतेचें प्रदर्शन म्हणून ऑपरेशन सिंदूराची ताणी तोखणाय केली. प्रधानमंत्र्यान देशांतल्या तरणाट्यां खातीर एक लाख कोटी रुपयांची प्रधानमंत्री विकसीत भारत रोजगार येवजण जाहीर केली. हे येवजणे खाला खाजगी क्षेत्रांत नवी नोकरी करपी तरणाट्यांक एक म्हयन्याचो ईपीएफ वेतन प्रोत्साहन म्हणून

15 हजार रुपया मेरेन सरकारा कडच्यान दितले. ही रक्कम स म्हयन्यांच्या दोन हप्त्यांनी दितले. Byte विकसित रोजगार

40

उपग्रह, संशोधन आनी अत्याधुनीक अंतरिक्ष तंत्रगिन्यानांत ३०० वयर स्टार्टअप सक्रीयपणान नवनिर्माण करतात. तरणाटे शास्त्रज्ञ, प्रतिभावान तरणाटे, अभियंते, वेवसायीक आनी सरकाराच्या दरेका खात्याक विमानां खातीर मेड इन इंडिया फायटर जेट इंजिन तयार करपाचो उलो प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हानी मारला byte फायटर

खेलो 130

देशांतल्या खेळाक चालना दिवपा खातीर केंद्र सरकारान खेलो इंडिया धोरण हाडलां अशें प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी सांगलें. देशांतल्या खेळां पर्यावरण यंत्रणेची सर्वांगीण उदरगत करपा खातीर हें धोरण हाडलां. खेलो इंडिया धोरणा खाला खेलो इंडिया युव खेळ, खेलो इंडिया विद्यापीठ गेम्स, खेलो इंडिया शिंयाळी खेळ आनी खेलो इंडिया पॅरा खेळ अशीं जायते बहु-खेळा सर्ती वेगवेगळ्या पांवड्यार आनी श्रेणींत घडोवन हाडटात अशें मोदी हांणी सांगलें. प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी उदरगतींत खेळाचें म्हत्व उक्तायलें आनी हे पिळगेच्या पालकांनी आपल्या भुरग्यांक खेळांत रूची घेवपाक प्रोत्साहन दिल्ल्या खातीर खोशी उक्तायली. भुरगीं खेळांत रूची घेतात जाल्यार देशाच्या फुडारा खातीर हो एक शुभ संकेत. भारताची 2036 वर्सा उमाशेच्या ऑलिंपिकाचे आयोजन करपाक उत्सुक आसा जें खेळां महाशक्त जावपाचे दिकेन म्हत्वाचें पावल थारतलें. 2024 वर्सा पॅरिसांत जाल्ल्या उमाशेच्या ऑलिंपिकांत भारतान पांच कांस्य आनी एक रुप्या पदकां सयत स पदकां जिखलीं.

मोदी 90

देशाचे लोकसंख्येक धोको निर्माण करपी बेकायदेशीर स्थलांतरा आड प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी शिटकावणी दिल्या. स्वातंत्र्य दिसा उलोवपांत मोदी हांणी बेकायदेशीर स्थलांतरीतांक लागून जावपी धोक्यां पासून देशाची राखण करपा

खातीर उच्च शक्तीची लोकसंख्याशास्त्रीय मोहीम जाहीर केली. ताणी म्हणले की, ते देशाक या चिंतेबद्दल सावध करू इच्छितात, जें आता एक आव्हान जाला. ताणी म्हणले की, एका विचारपूर्वक केल्या कटाच्या अंतर्गत, देशाचे लोकसंख्याशास्त्र बदलप चलला आणि एका नवीन संकटाची बीया पेरप चलला. घुसखोरी करपी देशांतल्या तरणाट्यांचो जीवनमान काडून घेतात, आमच्या भयणींक आनी धुवांक ते लक्ष्य करतात, आदिवासींची दिशाभूल करून तांच्यो जमनी बळकायतात. हें सोंसुन घेवचे ना अशे ताणी सांगलें.

40

भारतीय सशस्त्र दलांनी पाकिस्तानमधल्या दुस्मानाच्या हद्दीत शेकडो किलोमीटर हल्ला केलो आणि दहशतवाद्यांच्या मुख्यालयांक मातीभरवण केले भारतान आता निर्णय घेतला की, रक्त आणि उदक एकठाय व्हाव्चे ना.ताणी नमूद केले की देशात लोकांक आता हे समजला की सिंधू उदक कबलात अन्याय अशिली
**byte khoon pani**

GST 70

दिसपट्ट्या वस्तूंचेर कर उणो करपाचो हेतून हे दिवाळे मेरेन फुडले पिळगेची जीएसटी सुदारणा चालीक लावपाची घोशणा प्रधानमंत्र्यान केली. ह्या सुदारणांक लागून सामान्य मनीस, शेतकार, मध्यमवर्गीय आनी सूक्ष्म, ल्हान आनी मध्यम उद्देगांक सुटका मेळटली आनी अर्थीक कार्यावळीक चालना मेळटली अशें तांणी सांगलें. फुडले पिळगेंतल्या सुदारणांक चालना दिवपा खातीर एक समर्पीत सुदारणा कार्यदळ तयार करपाचीय घोशणा प्रधानमंत्र्यान केल्या. 2047 मेरेन भारताक 10 ट्रिलियन डॉलर अर्थवेवस्थेच्या मागण्यांक तयार करप हें आपलें कर्तव्य अशें तांणी सांगलें. Byte दिवाळी GST

NHAI 110

भारतीय राष्ट्रीय म्हामार्ग प्राधिकरणान आयच्यान देशभरांतल्या सुमार 1,150 टोल प्लाझांचेर 'फास्टॅग वर्सुकी पास' सुविधा येसस्वीपणान चालीक लायल्या. रस्तो येरादारी आनी म्हामार्ग मंत्रालयाच्या म्हणण्या प्रमाण चालीक लावपाच्या पयल्या दिसा सांजवेळा 7 मेरेन सुमार १ लाख ४० हजार वावापरप्यांनी वर्सुकी पास खरेदी

करून तो सक्रिय केला. पास वापरप्यांक सुरळीत प्रवासाचो अणभव मेळचो हे खातीर दरेका टोल प्लाझाचेर NHAI अधिकारी आनी नोडल अधिकारी नेमल्यात अशें मंत्रालयान फुडें सांगलें. 3 हजार रुपयाच्या एका वेळेच्या शुल्का वरवीं परत परत फास्टॅग रिचार्ज करपाची गरज ना करपाच्या हेतान हो फास्टॅग वर्सुकी पास सुरू केला. ह्या पासाची वैधताय एक वर्सा खातीर वा 200 टोल प्लाझा क्रॉसिंगां खातीर आसा. FASTag वर्सुकी पास वैध FASTag आशिल्ल्या सगळ्या बिगर वेवसायीक वाहनां खातीर लागू जाता.

क्रिकेट 50

ब्रिस्बेन ऑस्ट्रेलियात जाल्या क्रिकेट खेळात दुसऱ्या एकदिवसीय खेळात भारत अ बायला क्रिकेट पंगडान ऑस्ट्रेलिया अ पंगडाआड शानदार जैत जोडले. यस्तिका भाटिया, राधा यादव आनी तनुजा कंवर हांणी अर्दशतक केली. पयली फलंदाजी करपाचो निर्णय घेत ॲलिसा हीलीन सर्वाधिक ९१ धांवड्यो करून ऑस्ट्रेलिया ए पंगडाक 50 षटकांत ९ बाद २६५ धांवड्यो मेळयल्यो.

चेस 35

इझ्राएलांत जाल्ल्या ग्रॅण्ड स्लॅम जेरुसलेम एथलेटिक्स सर्तींत ऑलिंपियन अंकिता ध्यानीन बायलांच्या 2000 मीटर स्टीपलचेसांत राष्ट्रीय विक्रम मोडून भांगरा पदक जिखलें.

हवामान 90

भारतीय हवामान खात्यान आयज कोंकण आनी गोंयांत खूब व्हड ते खुप घोग्यांनी पावस पडपाचो अदमास काडला. हवामान खात्यान आसाम, मेघालय, उत्तराखंड, मध्य महाराष्ट्र, तेलंगणा, अस्तंत मध्य प्रदेश आनी गुजरात वाठारांनी घोग्यांनी पावस पडपाचो अदमास दीला.